0224CH04

# 4 सावळेची कथा (तोगालू)




© NCERT not to be republished

नकुल आनी ताच्या इश्टांनी गांवांतल्या जात्रेंत तोगालू गोंबेयाता ह्या नांवान वळखतात तें सावळेचें नाटक पळयलें. सावळी पळोवन ते सगळे मोहित जाले.

तांका सुद्दां सावळी करपाचीय इत्सा आशिल्ली. देखून, तांणी बोटांनी वण्टीचेर वेगवेगळ्या जनावरांच्यो सावळ्यो तयार केल्यो. सावळी तयार करपाचोय तुमी यत्न करूं येता.



कर्नाटकांत चलपी कठपुतळी कला प्रकार भुरग्यां कडेन तोगालू गोंबेयाता विशीं म्हायती वांटची. भारतीय महाकाव्यांतले प्रसंग दाखोवपाखातीर कठपुतळींचो उपेग करतात. भुरग्यांकय कठपुतळी शो पळोवन तांचो अणभव सांगपाक लावप.



## चल करया

वेगवेगळ्या जनावरांच्यो सावळ्यो आनी तांचे आवाज तयार करून भुमिका-नाट्य करात.

## चल उलोवया

A. तुमी तुमचीच सावळी पळयल्या वा झाडाची, सुण्याची, गायची वा हेर खंयच्याय जनावरांची सावळी पळयल्या?

B. आमकां केन्ना सावळी दिसता?

C. सावळी केन्ना ना जाता?

### सावळे वांगडा मजा करात



आतां तुमच्या भोंवतणच्या वस्तूंचेर टोर्चाचो उजवाड घालून तांच्या सावळेच्या आकारांचें निरिक्षण करात.

A. टोर्चाची सुवात बदलल्यार सावळेचो आकार बदलतलो काय?

B. दिसाच्या खंयच्या वेळार तुमची सावळी सगळ्यांत लांब आसता?

C. दिसाच्या खंयच्या वेळार तुमची सावळी सगळ्यांत ल्हान आसता?

दिसाच्या वेगवेगळ्या वेळार तांच्या सावळेचेर तांणी केल्ल्या निरिक्षणां विशीं आनी ताचे फाटली कारणां विशीं भुरग्यां कडेन चर्चा करात.



© NCERT not to be republished

## आमी ट्रेस करया

A. तुमच्या भोंवतणच्या वस्तूंचो आकार सोदून काडात. देखीक- खोडरब्बर , पान, माचीसाच्या पेटी, शार्पनर वा गिरमीट, पेन्सिलाचे रंग आदी.



B. ट्रेसिंग केल्या उपरांत मेळपी आकार काडात.

© NCERT not to be republished

## आमी विचार करया

ज्या वस्तूंचो ट्रेस सारको आसता तांचीं नांवां बरोवचीं:

A. बाटलेची गुड्डी

B. खोडरब्बर

## आपा-लिपा

वर्तूळ ◯ आनी समचवकोन ▭ समचलकोन वर्तूळा सावन लिपता.




© NCERT not to be republished




© NCERT not to be republished

## ते सगळे आतां एकठांय खेळटात.

A. वर्तूळ ○ घड्याळ वा बॉला भितर लिपपाक शकता. __________, __________.

B. समचौकोन ▭ बुटांच्या पेटयेंत वा फोटो फ्रेमीन लिपपाक शकता. __________, __________.

C. पूण त्रिकोण △ आनी चौकोन गोंदळून □ आश्चर्यांत आसतात. आतां खंय लिपोवप? तांकां कांय सुवाती सुचयात जंय तांकां लिपोवंक मेळटले.”

i. समचवकोन △ लिपपाक शकता. __________, __________.

ii. चौकोन □ लिपपाक शकता. __________, __________.

## कार्पेटाक रंग करात



त्रिकोणांक तांबडो रंग भरात.

वर्तुळांक पाचवो रंग भरात.

आयतांक हळडुवो रंग भरात.

चौकोनांक निळो रंग भरात.

## वेगवेगळ्या आकारांचो स्वताचो डिझायन तयार करात आनी तांकां रंग भरात.

© NCERT not to be republished

## कोनशाक धरात!

नवीन आनी ताचे इश्ट एक खेळ खेळटात. नवीन वण्टीक तोंड करून उबो रावून ताळयो मारतात. तो ताळयो मारताना ताचे इश्ट मेजा भोंवतणी धांवतात. तो ताळयो मारप बंद करता, तेन्ना सगळेच थांबतात. कोनशाक नाशिल्लो भुरगो खेळांतल्यान भायर आसतलो. मागीर भुरगो ताळयो मारतलो आनी खेळ चालूच उरतलो.




## चित्रांत पळयात आनी सकयल दिल्ल्या प्रस्नांक जाप दियात.

A. मेजाच्या कोनशां लागसार उबे आशिल्ल्या भुरग्यांचें नांव सांगात.
B. फुडें कोण ताळयो मारतलो तें सांगात?
C. वसीम खंय उबो आसा?
D. हो खेळ गोल मेजा भोंवतणी खेळपाक येता? कित्याक वा कित्याक ना?
E. आमच्या भोंवतणच्या वस्तूंचीं नांवां सांगात जांकां सरळ कांठां आसतात.
F. आमच्या भोंवतणच्या जायत्या वस्तूंच्यो कांठां वक्र वा वांकडी आसतात. कांय सकयल दाखयल्यात. तुमकां भोंवतणी दिसपी अशा वस्तूंचीं नांवां सोदून काडात आनी वांटून घेयात.



© NCERT not to be republished



## आमी विचार करया

A. वक्र वा वांकडे धार आशिल्ल्या वस्तूंक कितले कोनशे आसतात?

B. सरळ आनी वक्र वा वांकडे अशीं दोनूय कांठां आशिल्ल्या वस्तूंचीं नांवां सांगात?

### ऑरीगामी मजा



A. एक कागद घेवन ताका घडी घालात आनी तो चौकोनी करतात.

B. ताचे ____ कोनशे आनी ____ कांठ आसतात.

C. दोन कोनशे जोडून ताका अर्दांत घडी घालून चित्रांत दाखयल्लें प्रमाण करात.

D. तुमकां मेळपी आकार ✓ अशी कुरु करात.

i. ● ii. ■ iii. ▲

E. ह्या आकारांक ____ कोनशें आनी ____ कांठ आसतात.

F. कागद परतून अर्दवट घडी करुन त्रिकोण करात आनी मागीर ताची घडी सोडात.

G. आतां त्रिकोणाच्या दोन कोनशांतल्यान दोन त्रिकोण तयार करात.

H. आतां कितले कोनशें आसात? ____

I. तिसरो कोनसो वयर घडी करात आनी ताका नाक आनी दोळे दाखयल्ले प्रमाण करात.

J. तुमचो कागदाचो सुणो तयार आसा!!



चौकोनी पत्रकांक 4 कोनशें मेळटले अशे तरेन ताची घडी करुंक येतात? आतां ताचे कितले कोनशें आसात?

भुरग्यांक तांच्या भोंवतणच्या वेगवेगळ्या वस्तूंचो सोद घेवपाक सांगात आनी तांच्या कांठांचो, कोनशांचो आनी बाजूंचो आंकडो सोदून काडपाक सांगात.कितले कोनशें आसात?



© NCERT not to be republished



## नमुने

A. वेगवेगळ्या आकाराच्या वस्तूंचेर मुद्रांकीत करून डिझायन तयार करात जशे की — बाटलेच्यो गुड्डी, खोडरब्बर, पेन्सिल, नाणीं, आदी.



B. राधा आपल्या हातांक मेहंदी लायतात. तशेंच मेहंदीचो नमुनो वा डिझायन करपाक हाताचो सोद घेवंक मेळटा.





© NCERT not to be republished

## चल करया

नित्या पानां कडेन खेळटा आनी नमुने तयार करतात.



आतां तुमीय कांय पानां एकठांय करून एक नमुनो तयार करतात. पानाची एक बाजू रंगोवन सकयल दिल्ल्या जाग्यार छापून काडची.

## प्रकल्पाचें काम

तुमचे घर वा वर्ग सजोवपाक तुमच्या जाण्ट्यांच्या आदारान वेगवेगळ्या आकाराचे कटआउट वापरून वण्टीचेर फांशी तयार करात.

© NCERT not to be republished

## सकयल दिल्ल्या नमुन्यांचो विस्तार करात.

A.



B.



C.



D.



E.



F.



G. AB BC CD

H. AA Bᗺ CƆ Dᗡ EƎ

I.



© NCERT not to be republished



किक्कू कांसव 4 व्या टायलाचेर उडी मारता. फुडें खंय उडी मारची तें तो विसरलो. फुडल्या टायल्साचेर वर्तुळ काडून ताका आदार करचो.

1, 4, _____, _____, _____, _____, _____, _____




किक्कूची आवयय 6 व्या टायलाचेर उडी मारता. फुडल्या टायल्साचेर × कुरु घालून तिका मजत करात.

1, 6, 11, _____, _____, _____, _____, _____



## चल करया

**सकयल दिल्ले संख्या नमुने वाडयात.**

A. 5, 10, 15, ☐ ☐ ☐ ☐ ☐

B. 7, 14, 21, ☐ ☐ ☐ ☐ ☐

C. 1, 7, 13, ☐ ☐ ☐ ☐ ☐

© NCERT not to be republished